गोवा कोंकणी अकादेमी वतीन राजभास दिसा निमतान राज्य
पांवड्यार कार्यावळ. 'राजभास, तरणाटो आनी गोंयचो फुडार' ह्या विशयाचेर व्याख्यानां.

गोंय सरकाराची गोवा कोंकणी अकादेमी 04 फेब्रुवारी हो दीस दर वर्सा राजभास दीस म्हूण मनयतात आनी ह्या दिसा निमतान वेगवेगळ्या कार्यावळींचें आयोजन करतात.
अंदू 39 व्या कोंकणी राजभास दिसा निमतान राज्य पांवड्यार 'राजभास, तरणाटो आनी गोंयचो फुडार' ह्या विशयाचेर व्याख्यानां घडोवन हाडपाचें थारायलां. तशेंच अकादेमीच्या शणै गोंयबाब
सभाघरांत ता. 04/02/2026 दिसा सांजेच्या 3:30 वरांचेर खाशेली कार्यावळ आयोजीत केल्या. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूणकोंकणींतले म्हालगडे आनी अखील भारतीय कोंकणी परिशदेचे अध्यक्ष फा. मौजीञ आताईद मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. तशेंच राजभास संचालनालयाचे उप-संचालक श्री. अनील सावंत मानाचे सोयरे म्हूण उपस्थीत आसतले. तशेंच हे कार्यावळींत 'राजभास, तरणाटो आनी गोंयचो फुडार' ह्या विशयाचेर डॉ. हनुमंत चोपडेंकार हांचे खास व्याख्यान आसतलें.
त्या भायर अकादेमीच्या वेगेवेगळ्या येवजण्यां खाला 5 पुस्तकांचें विमोचन जातलें. तीं म्हणल्यार सुनील पालकार हांचें 'उदेंत', सुशांत लक्ष्मीकांत नायक हांचें 'होम मिनिस्टर', सम्राट बोरकार हांचें 'आयलव्ह यू', एन्थनी मिनेझीस हांचें 'हांव घोवाची बायल', अरूण आबा नायक हांचें 'म्हज्यो गोंयच्यो यादी'. हे कार्यावळींत कोंकणी विशयांत बी.ए. आनी एम.ए. पांवड्यार सगळ्यांत चड गूण मेळयल्ल्या विद्यार्थ्यांक अकादेमीच्या कोंकणी शिक्षणीक शिश्यवृत्ती येवजणे खाला शिश्यवृत्ती भेटवण सुवाळो
जातलो.
तशेंच राजभास दिसाचीं व्याख्यानां राज्य पांवड्यार सकयल दिल्ल्या महाविद्यालयांनीं आयोजीत जातलीं.

1. मुरगांव आनी साश्ट म्हाल – पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय,
मडगांव.
2. दिवचल आनी सत्तरी म्हाल – सरकारी महाविद्यालय, सांखळी.
3. तिसवाडी आनी पेडणें म्हाल – सारस्वत महाविद्यालय, म्हापशें.
4. सांगें, काणकोण आनी केंपे म्हाल – सरकारी महाविद्यालय, केपें.
5. धारबांदोडें आनी फोणें म्हाल – पी. ई. एस. महाविद्यालय, फोणें.

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.